26th July 2026 8.40am

मुखेल खबरो

- सरकारान मागणी मानून घेतल्या उपरांत, कॉन्क्रोज जनता पार्टीन आपलें आंदोलन फाटीं घेतलां.

- धर्मेंद्र प्रधान हांच्या राजीनाम्या उपरांत, केंद्रीय मंत्री प्रल्हाद जोशी हांची नवे शिक्षण मंत्री म्हूण नियुक्ती.

- सरकार फाल्यां लोकसभेंत, सार्वजनिक परीक्षा (अनुचित साधनां प्रतिबंध) दुरुस्ती विधेयक मांडतलें.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 11 वरांचेर, आकाशवाणी वेल्या 'मन की बात' कार्यावळीं वरवीं देश विदेशांतल्या लोकां कडेन संवाद सादतले.

- १९९९ वर्साच्या कारगिल झुजांत जीवाचे बलिदान दिल्ल्या, भारतीय सैनिकांच्या शौर्याचो भोवमान करपा खातीर, आयज कारगिल विजय दिवस मनयतात.

- स्कॅश खेळांत, अनाहत सिंग हाणी, वर्ल्ड ज्युनियर चॅम्पियनशिप जिंकून इतिहास रचला. ही सर्त जिंकपी ती पहिली भारतीय थारल्या.

CJP Strike End -

सरकारान मागणी मानून घेतल्या उपरांत, CJP न आपलें आंदोलन फाटीं घेतलां. परीक्षा पद्धतींत सुधारणा आनी पेपर लीक रोखपा खातीरच्या उपायांयेर लक्ष केंद्रित करून, केंद्रीय मंत्री जे.पी. नड्डा आनी डॉ. जितेंदर सिंग हाणीं काल, CJP च्या शिष्टमंडळा वांगडा चर्चेची तिसरी फेरी घेतली. नवी दिल्लींत CJP च्या शिष्टमंडळा वांगडा संयुक्त पत्रकार परिशेंदेत उलयातना जे.पी. नड्डा हाणीं सांगलें की, हे बसकेत आंदोलकांचेर कसलीच कारवाई करची न्हय आनी तांचेर कसलोच एफआयआर नोंदवचो न्हय, ह्या CJP च्या मागण्यांक सरकारान मान्यताय दिली. परीक्षा संस्थांनी सुधारणां खातीर CJP न दिल्ल्या पाच मुद्द्यांचेर उलयताना, मंत्री नड्डा हाणीं सांगलें की, सरकार या चार्टराचेर विचार करतलें आनी CJP वांगडा चर्चा करून जे शक्य आसा, तें करपाक तयार आसा.

Joshi Edu –

धर्मेंद्र प्रधान हांच्या राजीनाम्या उपरांत, केंद्रीय मंत्री प्रल्हाद जोशी हे नवे शिक्षण मंत्री आसतले. जोशी हांकां तांच्या सध्याच्या खात्यां व्यतिरिक्त, शिक्षण मंत्रालयाचो अतिरिक्त कार्यभार दिला. मंत्री जोशी सद्या गिरायक वेव्हार, अन्न आनी भौशीक वितरण आनी नवी आनी नवीनीकरणीय ऊर्जा मंत्री म्हणून, काम पळयतात. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी धर्मेंद्र प्रधान हांचो केंद्रीय मंत्रीमंडळातलो राजिनामो तात्काळ प्रभावान, स्वीकारला.

दुरुस्ती विधेयक -

सरकार फाल्यां लोकसभेंत सार्वजनिक परीक्षा (अनुचित साधनां प्रतिबंध) दुरुस्ती विधेयक, २०२६ मांडतलें. सोमारा विधीमंडळाच्या कामकाजांत, हे विधेयकात दुरुस्ती करपाचो यत्न करतले. हे विधेयक केंद्रीय मंत्री डॉ. जितेंदर सिंग मांडतले. शुक्रारा, केंद्रीय मंत्रीमंडळान पेपर लीक आनी परीक्षांतील गैरप्रकारांच्या प्रकरणांत, जलद गतीन सुनावणी करपा खातीर आनी कडक ख्यास्त सुनिश्चित करपा खातीर विधेयकाच्या मसुद्याक, मान्यताय दिली.

Mann Ki Baat –

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 11 वरांचेर, आकाशवाणी वेल्या 'मन की बात' कार्यावळीं वरवीं देश विदेशांतल्या लोकां कडेन संवाद सादतले. हो ह्या म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो 136वो भाग आसतलो. आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाच्या पुराय नेटवर्काचेर, AIR News वेबसायटीचेर आनी Newsonair मोबायल ॲपाचेर हि कार्यावळ प्रसारीत जातली. तशेंच AIR News, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचे थेट प्रसारण जातले. हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडेंच आकाशवाणी, प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.

राष्ट्रपती ३ देश -

मोल्डोवा, उत्तर मॅसिडोनिया आनी रोमानिया हांगाची भोंवडी सोपोवन राष्ट्रापती द्रौपदी मुर्मू आयज सकाळीं, नवी दिल्लीक परतल्यो. ह्या भेटी वेळार राष्ट्रपती हांणी तीन युरोपीय देशां कडेन, भारताची रणनिती भागीदारी घटमूट करपाचो हेत आशिल्ली उंचेल्या पांवड्यावेली चर्चा केली. तशेंच रोमानियेंतल्या बुखारेस्ट युनिव्हर्सिटी ऑफ इकोनॉमिक स्टडीज कडल्यान राष्ट्रपतीचो भौमान जालो. जो भारत आनी रोमानिया हांचे मदल्या वाडट्या संबंदांचें प्रतिबिंब आसा.

राष्ट्रपती -

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी भारत-रोमानिया संबंद घटमूट करपाखतीर, रोमानियेंतल्या भारतीय समाजाची तोखणाय केल्या. रोमानियेच्या अधिकृत भेटेच्या निमाण्या दिसा, बुखारेस्टांत भारतीय समाजा खातीर आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत त्यो उलयताल्यो.

कार्गिल विजय दिवस -

१९९९ वर्साच्या कारगिल झुजांत आपल्या जीवाचे बलिदान दिल्ल्या, भारतीय सैनिकांच्या शौर्याचो भोवमान करपा खातीर आयज देशभरांत कारगिल विजय दिवस मनयतात. ह्या दिसा पाकिस्तानाचेर, भारतान जैत मेळयल्ल्याक आनी ऑपरेशन विजय यशस्वीपणान सोंपल्याक, २७ वर्सां पुराय जातात. हे कारवायेंत भारतीय सशस्त्र दळान, जम्मू-काश्मीरांतल्या कारगिल जिल्ह्यांतलो, पाकिस्तानी सैनिक आनी दहशतवाद्यांनी घुसखोरी केल्लो वाठार परतून मेळयलो. हे निमतान मुखेल कार्यावळ लद्दाखांतल्या द्रास हांगाच्या, कारगिल झुज स्मारकांत जाता.

PM VIKSIT VIBRANT VILLAGE -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सांजे 4:30 वरांचेर व्हिडियो कॉन्फरन्सिंग वरवीं, विकसित व्हायब्रंट व्हिलेज प्रोग्राम 2026 हातूंत, वांटो घेवप्यांकडेन संवाद सादतले. दरेक राज्य आनी केंद्रशासित प्रदेशाचें प्रतिनिधित्व करपी आनी भाग घेवपी400 परस चड तरणाटे, प्रधानमंत्र्या कडेन संवाद सादटले. फाटल्या म्हयन्याच्या 4 ते 30 तारखे मेरेन दोन पांवड्यांनी, विकसित व्हायब्रंट व्हिलेज प्रोग्राम 2026 आयोजीत केल्लो. तातूंत लडाख, हिमाचल प्रदेश आनी उत्तराखंडांतल्या 74 व्हायब्रंट गांवांचो आस्पाव आशिल्लो. तीन लाखां परस चड तरणाट्यांनी वांटो घेतिल्ल्या देशव्यापी ऑनलायन प्रश्नमंजुषा सर्ती वरवीं, वांगड्यांची निवड केल्ली.

उपराष्ट्रपती -

संसदेचो दरेक खीण हो लोकशाय घटमूट करपा खातीर समर्पित आसूंक जाय, अशें उपराष्ट्रपती सी.पी.राधाकृष्णन हांणी म्हणला. नवी दिल्लींत राज्यसभेच्या नव्यान वेंचून आयिल्ल्या वांगड्यांखातीर आयोजित, अभि-मुखता कार्यावळींत ते उलयताले. (Bytes - Vice President)

ह्यावेळार रचनात्मक सहकार्य आणि संसदीय परंपरांचे पालन करपाच्या महत्त्वाचेर उपराष्ट्रपतीनी भर दिलो. लोकां कडेन सतत संपर्क दवरून, प्रस्नवर आनी शून्य वराचो प्रभावी वापर करपाचे आवाहन तांणी संसद वांगड्यांक केले.

IFFI Goa –

20 ते 28 नोव्हेंबर, 2026 ह्या काळांत गोंयात जावपी 57व्या भारतीय आंतरराश्ट्रीय चित्रपट महोत्सवा खातीर, राष्ट्रीय चित्रपट विकास म्हामंडळान अधिकृतपणान प्रवेशिका स्वीकारपाक सुरवात केल्या. महोत्सवाचो दिग्दर्शक आशुतोष गोवारीकर हाच्या फुडारपणा खालच्या, आशियांतल्या सगळ्यांत पोरण्या चित्रपट महोत्सवांत मुखेल भारतीय पॅनोरमा विभाग आसतलो, तातूंत 25 फिचर आनी 20 नॉन फिचर चित्रपट, तशेंच पदार्पण करपी दिग्दर्शकांक आनी डिजिटल वेब मालिकांक पुरस्कार दितले. ICFT-UNESCO गांधी पदकासयत, आंतरराश्ट्रीय सर्ती खातीरय संवसारीक प्रवेशिका उक्त्यो आसात. भारतीय श्रेणीं खातीर प्रवेशिका सादर करपाची मुदत ऑगस्टाच्या मध्याक सोपता, जाल्यार फिल्म फेअरवरवीं आंतरराष्ट्रीय प्रवेशिका सादर करपाची निमणी तारीख, ३१ ऑगस्ट २०२६ आसा.

स्कॅश -

स्कॅश खेळांत, अव्वल मानांकित अनाहत सिंग हाणी, वर्ल्ड ज्युनियर चॅम्पियनशिप जिंकून इतिहास रचला आनी ती ही स्पर्धा जिंकपी पहिली भारतीय थारल्या. कॅनडांतल्या नायगारा-ऑन-द-लेक हांगा जाल्ल्या, वर्ल्ड ज्युनियर चॅम्पियनशिपच्या चलयांच्या एकोड्या गटाच्या फायनलीत, अनाहतन इजिप्तच्या रुकाय्या सालेम हाचो ३ आड ० असो पराभव केलो. केंद्रीय मंत्री मनसुख मांडविया हाणीं अनाहत सिंग हाका विजेतेपद मेळयल्या उपरांत परबीं भेटयलीं.

Cricket T20 –

दादल्यांच्या क्रिकेटांत, हरारे हांगा काल जाल्ल्या तीन मॅचींच्या मालिकेच्या दुसऱ्या टी-20 आंतरराश्ट्रीय मॅचीत, भारतान यजमान झिम्बाब्वेचो 90 धांवड्यांनी पराभव केलो. ह्या जैताक लागून भारतीय पंगडांन मालिकेत २ आड ० अशी विजयी आघाडी घेतल्या. तशेंच नवो टी-२० कर्णधार श्रेयस अय्यरच्या फुडारपणाखाला ही पयली मालिका जिखल्या.

IMD –

भारतीय हवामान खात्यान आयज मध्य महाराष्ट्र आनी ओडिशा वाठारांत उटानगराच्या पावसाचो रेड अलर्ट जारी केल्या. छत्तीसगड, गुजरात, कोंकण आनी गोंय हांगाय, अति मुसळधार पावस पडपाची शक्यता आसा. हवामान खात्यान सांगलां की आंध्र प्रदेश, पूर्व मध्य प्रदेश, हिमाचल प्रदेश, जम्मू आनी काश्मीर, लडाख, झारखंड, उत्तराखंड, राजस्थान आनी उत्तर पूर्व भारताच्या कांय वाठारांनी आयज खूब पावस पडपाची शक्यताय आसा. ह्या म्हयन्याच्या 27 तारखे मेरेन अंदमान आनी निकोबार जुंवे, आंध्र प्रदेश, अंतर्गत कर्नाटक, तमीळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांगा वीज आनी वादळी वाऱ्या वांगडा, गडगड मारपाचो अदमास उक्तायला.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- सरकारान मागणी मानून घेतल्या उपरांत, कॉक्रोज जनता पार्टीन आपलें आंदोलन फाटीं घेतलां.

- धर्मेंद्र प्रधान हांच्या राजीनाम्या उपरांत, केंद्रीय मंत्री प्रल्हाद जोशी हांची नवे शिक्षण मंत्री म्हूण नियुक्ती.

- सरकार फाल्यां लोकसभेंत, सार्वजनिक परीक्षा (अनुचित साधनां प्रतिबंध) दुरुस्ती विधेयक मांडतलें.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 11 वरांचेर, आकाशवाणी वेल्या 'मन की बात' कार्यावळीं वरवीं देश विदेशांतल्या लोकां कडेन संवाद सादतले.

- १९९९ वर्साच्या कारगिल झुजांत जीवाचे बलिदान दिल्ल्या, भारतीय सैनिकांच्या शौर्याचो भोवमान करपा खातीर, आयज कारगिल विजय दिवस मनयतात.

- स्कॅश खेळांत, अनाहत सिंग हाणी, वर्ल्ड ज्युनियर चॅम्पियनशिप जिंकून इतिहास रचला. ही सर्त जिंकपी ती पहिली भारतीय थारल्या.